# Panaji

## प्रादेशिक खबरो

### १९.११.२०२५ @ ७.२० pm

- अग्नीविर येवजणेखाल प्रशिक्षण दिवन तयार जाल्ल्या ५१५ नव्या अग्नीविरांक आयज राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांचे उपस्थितीत निरोप दिलो.
- Goa Agri start up conclav 2025 ह्या शेतकी वीशयक एका दीसाचे परीशदेचे 24 नोव्हेंबराक आयोजन केला.
- ५६ वो आंतरराष्ट्रीय भारतीय चित्रपट महोत्सव (IFFI २०२५) फाल्यापासून सुरू जाता
- नावेलीच्या अवर लेडी ऑफ रोझरी म्हळ्यारच रुजाय साईबिणीचे फेस्त आयज व्हडा भक्तीभावान आनी उमेदीन मनयले

अग्नीविर येवजणेखाल प्रशिक्षण दिवन तयार जाल्ल्या ५१५ नव्या अग्नीविरांक आयज राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांचे उपस्थितीत निरोप दिलो. रावणफोंड नावेली हांगाच्या ३ एमटीआर सैनिक प्रशिक्षण केंद्राचेर आयज त्या निमतान संचलन जाले., देशाचे सुरक्षे खातीर तयारी खूब म्हत्वाची. सैनिक आपली जापसालदारकी परिपूर्णपणान पाळटात. नागरिकांचो सहभागूय तितलोच म्हत्वाचो. देशाचे उदरगती खातीर आनी प्रगती खातीर सगळ्यांनी हात मेळोवन सैनिकांक मेळून वावुरप गरजेचें अशें मत ह्यावेळार उलयताना राज्यपाल राजू हांणी उक्तायले. ह्या अग्नीविरांक मे म्हयन्यांसावन प्रशिक्षण दिवप चालू आशिल्ले. आयज प्रशिक्षण पुराय जाल्ल्या ह्या जवानांनी राज्यपालांक सलामी दिली. ह्यावेळार ब्रिगेडियर हर्ष भाटिया, नौदलाचे अधिकारी आनी पुलीस खात्याचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले. तरणाटी पिळगी सैन्यांत भरती जावपाक लागल्यात ही व्हड खोस आनी समाधानाची गजाल अशें राज्यपालांनी म्हणलें. भारताचे उदरगती खातीर आनी प्रगती खातीर सैनिक आनी हेर नागरिकां वांगडा प्रसार माध्यमांच्या प्रतिनिधींनीय आपलें कर्तव्य पाळचें असो उलो तांणी ह्यावेळार मारलो.

Goa chamber of commerce and industry वतीन Goa Agri start up conclav 2025 ह्या शेतकी वीशयक एका दीसाचे परीशदेचे आयोजन केला.ही परीशद 24 नोव्हेंबराक पणजे जिमखाना सभाघरात जातली.परीशदेचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जातले.जाल्यार मानाचे सोयरे म्हण पर्यटन मंत्री रोहन खवटे हाजीर आसतले.ह्या परीशदेत 200 वयर गोंयचे शेतकी मळावेले जाळवणदार वाटो

घेतले.ह्यावेळार  धारवाडच्या कृशी एग्री buisness incuberator आनी गोंय सरकारामदी शेतीवीशयक कबलात जातली अशी म्हायती gcci चे शेतकी विभाग  मुखेली महेश पाटील हांणी दील्या.

५६ वो आंतरराष्ट्रीय भारतीय चित्रपट महोत्सव (IFFI २०२५) फाल्यापासून सुरू जाता. हो उल्लेखनीय कार्यक्रम जागतिक चित्रपटसृष्टीचो एक भव्य उत्सव.  ८१ देशांमधले २४० परस चड  चित्रपट प्रदर्शित करतले. आकाशवाणीच्या प्रतिनिधीन दिल्या खबरे प्रमाण २० ते २८ नोव्हेंबर मजगती जावपी ५६ व्या आंतरराष्ट्रीय भारतीय चित्रपट महोत्सव (IFFI २०२५) च्या आयोजना खातीर गोवा उमेदिन भरला. या वरसा हो महोत्सव, एक अविस्मरणीय अनुभव असपाचे आश्वासन दिता जातुन विविध चित्रपट, मास्टरक्लास आणि सांस्कृतिक कार्यक्रम 'आसपावता. महोत्सवाची सुरुवात पणजीत  एका उत्साही स्ट्रीट कार्निव्हलन जाता जातुन,  सांस्कृतिक गट, निर्मिती संस्था आणि राज्य प्रतिनिधींचो आसाव असा. परेड गोयचे समृद्ध सांस्कृतिक दायज प्रदर्शित करतले आणि एका रोमांचक महोत्सवाची सुरुवात जातली. हाका लागुन दनपारा सावन पोरणे सचिवालय ते कला अकादेमी मरेनची येरादारी दुसरे वटेन वळयल्या. आकर्षक दर्यादेगो, उत्साही संस्कृती आणि उबदार आदरातिथ्य हाका लागुन, गोय हे IFFI 2025 खातीर परिपूर्ण यजमान आसा. सिनेमाची जादू अणभवाची आणि कथाकथनाची कला मनोवपाची ही संध वगडाव नाकात

इफ्फी वेळार थिएटरानी  चार श्रेणींत वेगवेगळया मथळयाचे  एक आकर्षक मिश्रण दाखयतले: हातुत प्रेरणादायी चित्रपट, इंडियन पॅनोरामा क्लासिक्स, पोरणे फिल्म  आणि भूर्ग्यांचे सिनेमा आसपावतात. पयलेच फावट शाहरुख खानचे तीन क्लासिक चित्रपट - चक दे! इंडिया, डर आणि दिलवाले दुल्हनिया ले जायेंगे  चित्रपटगृहांत  प्रदर्शित करतले. त्यांच्या वांगडा विधू विनोद चोप्राचो प्रशंसित १२THफेल, मल्याळम ब्लॉकबस्टर मंजुम्मल बॉईज, राजकुमार रावचो श्रीकांत, राणी मुखर्जीचो मिसेस चॅटर्जी व्हरसीस नॉर्वे, सूरज बडजात्याचो उंचाई, मीरा नायरचो सलाम बॉम्बे हे आसात. किस्सा, शतरंज के खिलाडी, तीसरी मंझिल, यश चांदनी_ आणि काला पत्थर सारखे क्लासिक चित्रपट. शालेय भूरग्यांखातीर  विशेष चित्रपटांचे प्रदर्शनय  असतले जातून , ज्यातकफल: वाइल्ड बेरीज, गट्टू, बनारसी जासूस, द प्रिन्स अँड द क्राउन ऑफ स्टोन आणि नाळ आसपावतात

भारताची आदली प्रधानमंत्री इंदीरा गांधी हांची आयज 108 वी जयंती. ह्या फांटभूयेर आयज कोंग्रेस हावजात इंधीरा गांधीजीक आर्गा ओपली. इंदीरा गांधीन भारत हो एक धाडसी आनी कर्तृत्ववान देश म्हण संसारामुखार दवरलो. सर्वसामान्यांच्या उदरगतीखातीर तीणे काम केले,खंबीर राजकीय नेतृत्व सामांळटाना,देशाची उदरगत,गरीबी हटाओ,बॅंकाचे राश्टीयकरण करीत अर्थिक उदरगत,शेतकारांची उदरगत ,तशेंच देशाची चोख सुरक्षा वेवस्थेची जवाबदारी सक्षमपणान सामाळ्ळी अशे मत ह्यावेळार का◌ॅग्रेस प्रदेश अध्यक्ष अमित पाटकार हांणी व्यक्त केला.ह्या कार्यावळीक  आमदार कार्लुस फरेरा,आदले  खासदार फ्रान्सिस्को सार्दीन,तशेंच पक्षाचे हेर ज्येश्ठ फुडारी आनी कार्यकर्ते हाजीर आशील्ले.

स्वदेशी विशीं जागृताय आनी ताचे समकालीन प्रासंगिकते विशीं जागृताय निर्माण करपा खातीर एनसीईआरटीन ‘व्हॉकल फॉर लोकल’ आनी ‘स्वदेशी’ हे संकल्पनेचेर भर दिवपी खाशेले व्हिडिओ मॉड्यूल तयार केल्यात. शाळेंतल्या विद्यार्थ्यां खातीर हे खाशेले मॉड्यूल आत्मनिर्भर भारताच्या संकल्पनेचेर आदारीत आसा जे आत्मनिर्भर भारताची संकल्पना मुखार व्हरता. सरकारी तशेंच अनुदानित माध्यमिक शाळांच्या सगळया मुख्याध्यापकांनी हे खासा व्हिडिओ सगळया विद्यार्थ्यांक दाखवचे अशें शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी कळीत केला.

नावेलीच्या अवर लेडी ऑफ रोझरी म्हळयारच रुजाय साईबिणीचे

फेस्त आयज व्हडा  भक्तीभावान आनी उमेदीन मनयले.  त्या निमतान इगर्जेच्या वाठारांत व्हड मिरवणूक काडली.कुंकळी हांगाच्या अवर लेडी ऑफ हेल्थ इगर्जेचो पाद्री फादर आलॅक्स मेनेझेस मुखेल पाद्री आसले. आपल्या मुखेल प्रार्थना सभेंत ताणी जेजूचे  शिकवणेचेर भर दिलो आनी सगळयांक आपली शिकवण वाडोवपाचो सल्लो दिलो. तेच प्रमाण तांणी मदर मेरीचे सद्‌गुण आपणावचे अशें तांणी सांगलें. सगळया समाजांतल्या लोकांक आपले दीस एकठांय शांती आनी सुखान सारपाचो सल्लो तांणी दिलो.नावेलीच्या अवर लेडी ऑफ रोझरी इगर्जेचे पाद्री गॅब्रिएल कुतीन्हो हाणी येवकार दिलो. मुखेल प्रार्थना सभेंत नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार हाजीर आशिल्ले. ताणी सगळयां खातीर आशीर्वाद मागलो आनी लोकांची आस्त आनी आकांक्षा पुराय जावची म्हूण मागणें केलें आणि  लोकांक शुभेच्छा दिल्यो.

गोंयच्या मुखेल वेचणूक अधिकारी कार्यालयान नागरिकांक तांचे गणना फॉर्म सादर करपाक ऊर्बा दिवपाखातीर SIR २०२६ रील सर्तीचे आयोजन केला. हे सर्तीत वाटेकार जातात तांणी ह्या उपक्रमाचो प्रचार करपाखातीर ६० ते ९० सेकंदांची इंस्टाग्राम रील तयार करून सीईओ गोवा हँडलाक टॅग करून ती पोस्ट करची. रील लिंक DM वरवी लेगित धाडू येता. २५ नोव्हेंबर मेरेन प्रवेशिका खुली आसतली. १०,०००, ५,००० आनी ३,००० रुपयांची रोख इनामा दितले. सर्जनशीलता आनी सोशल मीडियावरवी राज्यात मतदारांचो आस्पाव घटमूट करप हो हे मोहिमेचे मुखेल हेत आसा.

पोरणें गोंयांत 24 नोव्हेंबर ते 3 डिसेंबर 2025 मजगतीं जावपी सेंट फ्रान्सीस झेवियर नोवेना आनी फेस्ता निमतान येरादारी आनी पार्किंग वेवस्थेत बदल केल्यात.पणजेच्यान पोरणें गोंयांत वचपी प्रवाशांक रायबंदरच्या मार्गान खासा बशी आसतल्यो. दिव्यांगांक व्हरपी वाहनांक पोरणें गोंय इगर्जेच्या जंक्शना मेरेन येवन पोरणें गोंय पंचायती लागीं सुलभ सौचालयाच्या सामकार आशिल्ल्या उक्त्या सुवातेर आपली वाहनां उबीं करपाक मेळटलीं. वाहनांनी परत पणजे वतना सेंट आगुस्तीन टॉव्हर रायबंदर मार्गाचोच वापर करचो. पोरणें गोंय चर्च जंक्शन तें गांधी सर्कल दरम्यानचो रस्तो पुलीस, रुग्णवाहिका आनी उजो पालोवपी दळ हांची आपातकालीन वाहनां सोडल्यार हेर सगळया तऱ्येच्या वाहनां खातीर बंद असतलो.

69 व्या शालेय खेळां फॅडरेशनच्या राष्ट्रीय सर्तींखातीर गोंय राज्याचो अंडर-19 चल्यांचो क्रिकेट पंगड आनी अंडर-14 चले आनी चलयांचो बॅडमिण्टन पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान निवड चाचणीचे आयोजन केला.अंडर-19 चल्यांचो क्रिकेट पंगड निवडपा खातीर 20 नोव्हेंबराक कांपालवेल्या उकत्या मैदानाचेर निवड चाचणी जातली. बॅडमिण्टन खातीर 20 आनी 21 नोव्हेंबराक इंडोर हॉल कांपाल हांगा निवड चाचणी जातली

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २१.६ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला